आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date: 19/09/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ग्रीसचे प्रधानमंत्री किरियाकोस मित्सोताकीस वांगडा फोनाचेर उलवोप केले. भारत-ग्रीस रणनितीक भागीदारी आनीक घटमूट करपाच्या वचनबद्धतायेचेर दोनूय फुडाऱ्यांनी भर दिलो . वेपार, गुंतवणूक, तंत्रगिन्यान, जहाज येरादारी, संरक्षण, सुरक्षा, जोडणी, अशा मळार द्विपक्षीय संबंदांतक तांणी येवकार दिलो. तशेंच दोनूय फुडाऱ्यांनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर विचारांचे आदान-प्रदान केले .

30

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाल केंद्र सरकार सेवा आनी सूशासनाचो मार्ग आपणावन देशाच्या समावेशी उदरगती खातीर यत्न करता. देशांतल्या आदिवासी समाजांक सशक्त करपा खातीर केंद्र सरकारान फुडाकार घेतला आनी तांचो जिणेचो दर्जो सुदारला.

55

भारतान सगल्या प्रकारच्या आतंकवादाक आळाबंदा हाडपाखातीर घटमूट आनी नेटान यत्न करचे असो संवसाराक उलो मारलो . आतंकवादी आनी पाकिस्तान सरकार आनी लश्कर हांचे मदलो संबंद संवसाराक खबर आसा अशें भारतान सांगलें. पाकिस्तानांतल्या आतंकवादी संघटनांच्या ताज्या व्हिडियोचेर विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना विदेश मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें, अशा घडणुकांक लागून परिस्थिती आनीक भिरांकूळ जाता.

30

संरक्षण दळान ऑपरेशन सिंदूरवरवी आपली तांक दाखयल्या अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलें,. 1965 वर्सा जाल्या भारत-पाक झुजाच्या 60व्या वर्साच्या उगडासा निमतान आयोजित कार्यावळींत माजी सैनिकांक संबोधीत करतना तांणी सांगले.

45

केंद्रीय संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हाणीवर्स 2047 मेरेन विकसीत भारताचें सपन साकार करपा खातीर बायलां आनी तरणाट्यांच्या  सक्रीय सहभागाचेर भर दिलो .नवी दिल्लींत जाल्ल्या फ्युचर फ्रंटियर कॉन्क्लेव्हांत संबोधीत करतना ताणी सांगलें की.

60
शेतकी उपकरणां संबंदीत माल आनी सेवा करांतल्या सुदारणांचो लाव शेतकारांमेरेन पावपाच्या  गरजेचेर केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज चौहान हांणी भर दिलो .ताणी आयज नवी दिल्लींत शेती यंत्रणे खातीर जीएसटी सुदारणां विशीं घेतील्ल्या बसकेत सांगले  कि (बयतेस22सेक ). ह्या  सुदारणांची सुचारूपणान अंमलबजावणी करपा खातीर रणनितीचेरूय बसकेंत चर्चा जाली. ट्रॅक्टर आनी शेत यंत्रणा संबंदीत सगल्या संघटनांचे प्रतिनिधीनी  हे बसकेंत वांटो घेतलो.

60

23 सप्टेंबराक गोंयांतल्या अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्थेंत 10वो आयुर्वेद दीस मनयतले अशी म्हायती दितना आयुश मंत्री प्रतापराव जाधव हांणी दिल्या . भारताची पारंपारीक वैजकी पद्दत संवसारीक पांवड्यार नव्या उंचायेर पावता ही सगळयां खातीर अभिमानाची गजाल आसा.आयुर्वेदाचे हे  दायज दरेका व्यक्ती मेरेन पावोवपाचो आनी भलायकेन भरिल्लो भारत आनी भलायकेन भरिल्लो संवसार तयार करपाक योगदान दिवपाचो सरकाराचो हेत आसा अशें तांणी मुखार  सांगलें.

भारतीय हवामान खात्यान आयज आयज अंदमान आनी निकोबार जुव्यांचेर एकसुरे सुवातेर घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.तशेच बिहार, उत्तराखंड, मध्य प्रदेश, कोंकण, गोंय, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकालातल्या कांय सुवातींनी चड पावस पडपाचो अदमास आयएमडीन उक्तायला.

आयज अबू धाबींत जावपी आशिया कप 2025 च्या गट अ मॅचीत भारत ओमाना आड खेळटलो.हो खेळ रातच्या 8 वरांचेर सुरू जातलो. दोन मॅचींनी चार गूण मेळोवन भारत सुपर 4 खातीर पात्र थारला,

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.